# जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांच्या(जै.वे.स.)
# कार्यान्वयना खातीर मार्गदर्शक सुचोवण्यो

राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण (रा.जै.प्रा.)
चेन्नय

जानेवारी, 2013

# विशय-वळेरी


| | |
|---|---|
| **अनुभाग I... कार्यान्वयन बाबी** | |
| 1.1. जै.वे.स. चे स्थापनेंत रा.जै.मं., संस्था आनी नागरी संघटनांची भुमिका | 1 |
| 1.2. सैमीक संसाधनां वेवस्थापना कडेन संबंदीत हेर गांव पांवड्या वयल्या समित्यां कडेन जै.वे.स.चें एकीकरण | 1 |
| 1.3 कार्यान्वयना खातीर काळमर्यादा | 1 |
| 1.4 जै.वे.स.चें कार्यालय | 2 |
| 1.5 जै.वे.स.चो कार्यकाळ | 2 |
| 1.6 जै.वे.स. 'सुरवेचो निधी' मंजुरेची पद्दत | 2 |
| 1.7 जै.वे.स.ची भुमिका आनी कार्यां | 2 |
| 1.8 जै.वे.स.ची बसका | 3 |
| 1.9 जै.वे.स. बसकांचें इतिवृत्त | 3 |
| 1.10 जै.वे.स. कृती येवजण | 3 |
| 1.11 जै.वि. अधिनियम आनी जै.वे.समित्यांची क्षमताय वृद्धी | 3 |
| | |
| **अनुभाग II... अर्थीक बाबी** | |
| 2.1 जै.वे.स. खातीर अर्थीक संसाधनां | 5 |
| 2.2 जै.वे.स.क निधी पुरवण आनी तांच्या खात्यांचो सांबाळ | 5 |
| 2.3 निधीचो ताबो | 6 |
| 2.4 जै.वे.स. खातीर खर्चाची पद्दत | 6 |
| 2.5 लोक जैव-विविधताय रजिस्टरा खातीर खर्चाची पद्दत | 7 |
| 2.6 स्थायी आस्थापनांच्या वांगड्यां खातीर चेकांचेर निशाणी आनी पालव | 7 |
| 2.7 रोख नोंदपटी | 7 |
| 2.8 खर्चाचेर नियंत्रण | 7 |
| 2.9 बँक ताळमेळ विवरण | 8 |
| 2.10 खर्चाचें विवरण | 8 |
| 2.11 जै.वे.स. आनी जैवीक संसाधनांनी रिगाव, शुल्कभार, लाबवांटणी | 8 |
| | |
| **अनुभाग III... तंत्रीक बाबी** | |
| 3.1 सवे अनुसुचींत आस्पाविल्लीं क्षेत्रां | 9 |
| 3.2 जै.वे.स.चे घटाये खातीर तंत्रीक पालव गट (तं.पा.ग.) | 9 |

| | |
|---|---|
| 3.3 देखरेख | 9 |
| 3.4 लो.जै.र.चो ताबो आनी तातूंतली माहिती | 10 |
| 3.5 जै.वे.स. आनी जैव-विविधताय वारसो वास्तू | 10 |
| 3.6 वाद मिटोवप | 10 |
| | |
| **परिशिश्टां म्हूण आदर्श नमुनो** | |
| परिशिश्ट 1: ग्राम पंचायतींनी जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक | 11 |
| परिशिश्ट 2: गट/तालुको/मंडळ पंचायत पांवड्यार जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक | 12 |
| परिशिश्ट 3: जिल्लो पंचायतींत जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक | 13 |
| परिशिश्ट 4: नगर पालिका पांवड्यार जै.वे.स. च्या थारावाचो नमुनो | 14 |
| परिशिश्ट 5: महानगर पालिका पांवड्यार जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक | 15 |
| परिशिश्ट 6: जै. वे. स. च्या बसकांचें इतिवृत्त नोंद करपा खातीरचो नमुनो | 16 |
| परिशिश्ट 7: जैव-विविधताय वेवस्थापन समितीच्या वर्सुकी अहवाला खातीरचो नमुनो | 17 |
| परिशिश्ट 8: जैवीक संसाधनांचो वापर करपी वैज आनी वेवसायिकां खातीर नमुनो | 18 |
| परिशिश्ट 9: जैवीक संसाधनांनी रिगावा संबंदीची आनी मंजूर केल्ल्या परंपरीक गिन्याना संबंदीची नोंद दवरपा खातीर नमुनो | 19 |
| परिशिश्ट 10: खर्च रजिस्टर प्रमाणपत्र | 20 |
| परिशिश्ट 11: पावती | 21 |
| परिशिश्ट 12: चेक/ड्राफ्ट रजिस्टर | 22 |
| परिशिश्ट 13: बिल रजिस्टर | 23 |
| परिशिश्ट 14: रोख फारीकपणाचें प्रमाणपत्र | 24 |
| परिशिश्ट 15: चेकान रक्कम फारीक करपाचें प्रमाणपत्र | 25 |
| परिशिश्ट 16: प्रमाणपत्र रजिस्टर | 26 |
| परिशिश्ट 17: रोख नोंदपटी | 27 |
| परिशिश्ट 18: बँक संगती विधान | 28 |
| परिशिश्ट 19: जर्नल रजिस्टर | 29 |

## जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांच्या कार्यान्वयना खातीर मार्गदर्शक सुचोवण्यो

# अनुभाग 1: कार्यान्वयना संबंदी गजाली

### 1.1 जै.वे.स.चे स्थापणुकेंत रा.जै.मंडळां, संस्था आनी नागरी संघटनांची भुमिका

राज्याच्यो आनी थळाव्या परिस्थितींच्यो गरजो भागोवन सल्लो मसलतीचे परिणामकारक प्रक्रियेची खात्री करपाचे नदरेन आदिवासी पंगड आनी हेर वंचीत समाज-घटकां सयत सगळ्या लाब-दावेदारांचो आसपाव जै.वे.स. स्थापणूक प्रक्रियेंत जातलो.

संस्था वा नागरी संघटना वा तंत्रीक पालव गट (तं.पा.ग.) हांचे मध्यस्थे वरवीं जै.वे.स. ची रचणूक जावं येता, जैव-विविधतायेचे नदरेन सक्षम वाठार आनी लोकांची अभिरुची आनी पालव आशिल्लीं थळां सोदून काडूंक जाय आनी जै.वे.स.ची स्थापना करूंक जाय. जै.वे.स. स्थापन करपा खातीर सदस्य सचिवान राज्य जैव-विविधताय मंडळाकडल्यान मान्यताय मेळोवंक जाय. जै.वे.स.चो सोद वावर, स्थापना आनी कार्यान्वयन ह्या वावरांत तंत्रीक पालव गटांनी जाता तितलो पालव दिवं येता.

दरेके जै.वे.स.चे स्थापणुके खातीर राज्य जैव-विविधताय मंडळाक निधीची कांय टक्केवारी राखून दवरची पडूं येता. हे निधी भितर रा.जै.मं.नी जै.वे.स.चे स्थापने खातीर सक्षम क्षेत्रांचो सोद घेवपाचे नदरेन नागरी संस्थांक आनी तं.पा.ग.क सहभागी करून घेवपा खातीरचो खर्च आसपावूं येता.

सैमीक संसाधन वेवस्थापना कडेन संबंदीत गांव पांवड्या वयल्या हेर समित्यां कडेन जै.वे.स.चें एकीकरण करपा खातीर स्थानीक स्वराज्य संस्थांनी यत्न करूंक जाय.

### 1.2. सैमीक संसाधन वेवस्थापना कडेन संबंदीत गांव पांवड्या वयल्या हेर समित्यां कडेन जै.वे.स.चें एकीकरण.

जै.वे.स.ची स्थापना थळावे स्थिती प्रमाण, बागकाम/वैज/वनस्पती जाणकार/आदिवासी मुखेली आदींच्या आसपावा सयत रान/सैमीक संसाधनां वेवस्थापन समितीचे वांगडी हांच्या सयत स्थानीक संस्थेन करूंक जाय. जै.वे.स. भितर आसपावूं येता अशा व्यक्तींची सूचक वळेरी रा.जै.मं.न जारी करूंक जाय. थळाव्यो गरजो भागतात ते भशेन हे प्रतिनिधित्व आसचें.

संबंदीत सरकाराच्या वैधानीक हक्कां प्रमाण/प्रशासकी आदेशां प्रमाण घडिल्ल्या समित्यांतल्यान ले-गीत जैव-विविधताय वेवस्थापन समितीन आपले वांगडी वेंचून काडूं येतात.

### 1.3. कार्यान्वयना खातीर काळ

एक फावट जै.वे.स. स्थापन जाली काय तिचें कार्य बेगोबेग सुरू जावंक जाय आनी 12 म्हयन्याच्या काळा भितर तिची नियोजीत कामां पुराय जावपाक जाय.

जै.वे.स.चे सुरवेच्या निधींतली रक्कम खर्च करपाची उरली जाल्यार जै.वे.स. न ती रक्कम फुडाराक वापरूं येता.

मंजुरीप्राप्त निधींतली 50% मेरेनची रक्कम राखून दवरपाचो आनी आपले उपक्रम राबोवपा खातीर कळंतराचो वापर करपाचो प्राधिकार जै.वे.स.क दिवं येता.

### 1.4 जै.वे.स.चें कार्यालय

स्थानीक संस्थेन उपलब्ध करून दिल्ल्या कार्यालयांतल्यान जै.वे.स. आपलो कारबार चलयतली.

### 1.5 जै.वे.स.चो कार्यकाळ

जै.वे.स.चो कार्यकाळ पांच वर्सांचो/स्थानीक संस्थेच्या कार्यकाळा वांगडा सोंपपी आसतलो; अशें आसलें तरी नवी समिती स्थापन जाय मेरेन पोन्नी समिती कार्य चालू दवरतली.

### 1.6 जै.वे.स. 'सुरवेचो निधी' मंजूर करपाची कार्यपद्दत

जैव-विविधतायेचे नदरेन गिरेस्त वाठार आनी समाजीक संवेदनशील वाठार हांचेर आदारून राज्यांत स्थापन करपाच्या जै.वे.स.ची संख्या-निश्चिती दरेका राज्य जैव-विविधताय मंडळान करूंक जाय. राष्ट्रीय जैव-विविधताय मंडळान (रा.जै.प्रा.) आपले वटेन राज्य जैव-विविधताय मंडळांनी (रा.जै.मं.) मागिल्ली रक्कम मंजूर करपाक जाय. खर्चाचें विवरण आनी विनियोग प्रमाणपत्र (वि.प्र.) प्राप्त जातकीच रा.जै.मं. न दरेके जै.वे.स. क 2-4 हप्त्यांनी रक्कम मंजूर करूंक जाय. रा.जै.मं. नी खंयचेच तरेच्या बिलांची अपेक्षा करपाक जायना.

| क्र. | तपशील | गांव पांवड्या वयली जै.वे.स. (रु.) | गट पांवड्या वयली जै.वे.स. (रु.) | जिल्लो पांवड्या वयली जै.वे.स. (रु.) |
|---|---|---|---|---|
| 1 | सुरवेचो निधी | 60,000 | 80,000 | 1,00,000 |
| 2 | बँक खातें उकतें करतकीच | 10,000 | 13,328 | 16,660 |
| 3 | लेखनसामुग्रे सयत कार्यालयीन उपकरणांची खरेदी | 15,000 | 20,000 | 25,000 |
| 4 | बसका घडोवन हाडप (वर्साक दोन बसका) | 3,000 | 4,000 | 5,000 |
| 5 | जै.वे.स. आनी पंचायतीक एक प्रशिक्षण (सर्वसादारण जै.वि. माहिती) | 7,000 | 9,328 | 11,660 |
| 6 | जै.वे.स.ची स्थापना | 25,000 | 33,328 | 41,660 |

### 1.7 जै.वे.स. च्यो भुमिका आनी कार्यां

लोक जैव-विविधताय रजिस्टर तयार करपा वांगडाच, जै.वे.स. नी सकयल्ल्या गजालींची खात्री करूंक जायः

- जैवीक संसाधनांचें संवर्धन आनी चिरकालीन वापर
- थळावे जैव-विविधतायेचें परिस्थितिकी पुनर्स्थापन
- बु.सं.ह., परंपरीक गिन्यान आनी थळावे जैव-विविधतायेचे प्रस्न हांचे विशीं रा.जै.मं. कडेन योग्य प्रतिक्रिया तशेंच शक्य थंय आनी गरज थंय रा.जै.प्रा. कडेन प्रतिक्रिया नोंदवप.

- ✻ वारसो वनस्पती, पशू/सुक्षीम जीव आनी देवरायो तशेंच जलाशय हांचे सयत वारसो थलांचें वेवस्थापन
- ✻ वेवसायीक आनी संशोधन उद्देशां खातीर जैवीक संसाधनां आनी/वा संलग्न परंपरीक गिन्यानांत रिगावाचें नियमन
- ✻ जैव-संसाधनांच्या वेवसायीक उपेगांक लागून निर्माण जाल्ल्या लाबांची वांटणी
- ✻ अर्थीक नदरेन महत्वाच्यो वनस्पती/पशू हांच्यो परंपरीक जाती/प्रकारांचें संवर्धन.
- ✻ जैव-विविधताय शिक्षण आनी जागृताय निर्मणी
- ✻ दस्तावेजीकरण, जैव-संस्कृतीक, शिश्टाचार विकसीत करपाचे नदरेन प्रक्रिया निर्मणी
- ✻ चिरकालीन वापर आनी लाब वांटणी
- ✻ लो.जै.र.त नोंदयल्ल्या परंपरीक गिन्यानाची राखण

### 1.8 जै.वे.स.च्यो बसका

जै.वे.स.न वर्सांक उण्यात उण्यो 4 आनी दर तीन म्हयन्यांनी उण्यांत उणें एक बसका घेवपाक जाय.

ह्या बसकांची येजमानकी जै.वे.स.चो/ची अध्यक्ष आनी ताचे/तिचे गैरहाजिरींत, हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यांनी वेंचून काडिल्ल्या खंयच्याय वांगड्यान चलोवंक जाय.

अध्यक्ष धरून आनी अधिकृत वांगडी सोडून दरेके बसकेची गणपूर्ती तीन वांगड्यांनी जातली.

### 1.9 जै.वे.स. बसकेचें इतिवृत्त

जै.वे.स. बसकेचें इतिवृत्त/कामकाज बरोवन तें स्थानीक संस्था/जिल्लो नोडल अधिकाऱ्याक भेटोवंक जाय. रा.जै.मं. हे बसकेचें इचिवृत्त बरोवपाचे, रजिस्टर सांबाळपाचो तशेंच ते सारक्या हेर कामांचो नमुनो उपलब्ध करून दितलें रजिस्टर अद्ययावत करपाचो आनी चर्चा नोंदोवन घेवपाची थारा-वन नोंदवपाची, हिशेब तपासणेची प्रक्रिया निश्चीत करतलें, जाका लागून जै.वे.स. च्या पांवड्या दस्तावेजीकरणाची प्रक्रिया सोंपी जातली.

### 1.10 जै.वे.स. कृती येवजण

लोक जैव-विविधताय रजिस्टरांत अधिप्रमाणीत केल्ले माहितीच्या आदारान, दरेक जै.वे.स. एक कृती येवजण तयार करतली. हे कृती-येवजणेक तंत्रीक पालव गट मार्गदर्शन करतलो. जैव-संसाधनाचें संवर्धन करपाचे उपाय सुचोवपा भायर, हे कृती-येवजणेंत, जै.वे.स.च्या कर्मचाऱ्यांक दिवपाचें प्रशिक्षण तशेंच भूगोलीक निर्देशक (भू.नि.) म्हण नोंदणी करपा खातीरच्या सक्षम मुद्यांचे वळेरेचोय आसपाव आसतलो.

वखदी वनस्पती आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान धरून थळावे जैव-विविधतायेच्या चिरकालीन वापरा खातीरची सुक्षीम वेवस्थापन येवजण लेगीत विकसीत करतले.

### 1.11 जै.वि. अधिनियम आनी जै.वि. समित्यांची सक्षमताय वृद्धी

जैवीक विविधताय अधिनियम, 2002 संबंदी जागृताय वृद्धी ताची व्याप्ती आनी खासा करून जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांच्या कार्यान्वयना कडेन संबंदीत परिणाम हांचे भितरः

जैव-विविधताय अधिनियम, 2002 संबंदी जागृताय वृद्धी, जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची भुमिका, रान, पर्यावरण, आदिवासी कल्याण, ग्रामीण विकास, कृशी, बागकाम, पशुपालन, नुस्तेमारी आनी जलजीवसंस्कृताय, कुकडां पोसप, भलायकी, वखदांच्यो थळाव्यो वेवस्था, शिक्षण आदी साबार संबद्द सरकारी खात्यां कडेन जै.वे.स.ची भुमिका आदींचो आसपाव आसतलो.

क) जैव-विविधतायेच्या संवर्धना कडेन संबंदीत अधिनियम, नियम आनी संस्थां विशीं जागृताय वाडोवप.

ख) राज्य, जिल्लो आनी स्थानीक पांवड्या वयले निर्वाचीत प्रतिनिधी धरून विंगड विंगड सरकारी आनी बिगर सरकारी संस्थांच्या पांवड्याचेर क्षमताय वाडोवप.

ग) रा.जै.मं.न निर्धारीत केल्लेप्रमाण जै.वे.स.च्या वांगड्यां खातीर क्षमताय-वृद्धी आनी कौशल्य-विकास प्रशिक्षण. तातूंत सकयल्ल्या गजालींचो आसपाव जावं येताः

- लो.जै.र. निर्मणी.
- जै.वे.स. खातीर प्रशासकी प्रक्रिया.
- हिशेब/हिशेब-तपासणी अहवालाचो सांबाळ.
- बुद्दीक संपदा मुद्दे.
- रिगाव आनी लाब वांटणी मुद्दे.
- शुल्क लावप.
- कृती-येवजण, प्रकल्प-अहवाल, वर्सुकी अहवाल तयार करप.
- जैव-विविधतायेकडेन संबंदीत सगले अधिनियम आनी नियम.
- जैव-विविधताय वारसो थळांचें वेवस्थापन.

# अनुभाग II - अर्थीक बाबी

## 2.1 जै.वे.स. खातीर अर्थीक संसाधनां

जै.वे.स. सकयल्ल्या मार्गांनी निधी निर्माण करतल्योः

क) रा.जै.प्रा., रा.जै.मं. आनी राज्य सरकाराकडल्यान प्राप्त निधी (अनुदानां आनी रिणां). त्याभायर देणग्यो स्विकारपाच्या स्त्रोतासयत भारत सरकार आनी राज्य सरकाराचीं संबद्ध खातीं, हेर केंद्रीय आनी राज्यस्तरीय मंडळां, संस्था आनी समूह संस्था हांचे कडल्यान निधी उबारपाचो अधिकार जै.वे.स.क आसा.

ख) शुल्क (फी), परवानो शुल्क, अधिभार, राजस्व आनी हेर प्राप्तींवरवीं

पारदर्शकताय, देखरेख आनी फाटपुरवणे खातीर वयल्या दोनय तरांच्या प्राप्ती खातीर जै.वे.स. स्वतंत्रपणान बँक खातीं सांबाळटली.

## 2.2 जै.वे.स.क निधी पुरवण आनी हिशेब सांबाळप

जै.वे.स.च्या विंगड विंगड बाबींचेर नदर दवरपा खातीर, रा.जै.मं.चे शिफारशीवयल्यान राज्य सरकार दरेका जिल्ल्या खातीर नोडल ऑफिसर नियुक्त करतलें. थळावे परिस्थितीक संबद्ध अशा फावोश्या खात्यांच्या अधिकाऱ्यांक नोडल अधिकारी म्हूण नियुक्त करतले, जो रा.जै.मं. क जापसाल आसतलो.

रा.जै.प्रा., रा.जै.मं. कडल्यान अनुदानां, देणग्यो, भारत सरकार आनी राज्य सरकाराचीं संबद्ध खातीं, हेर केंद्रीय आनी राज्य मंडळां, संस्थां आनी समूह संस्था आदी विंगड विंगड स्त्रोतां कडल्यान संसाधनांनी रिगावा खातीर जै.वे.स. एक कृती-येवजण तयार करतली.

सुरवेचो निधी रा.जै.प्रा., रा.जै.मं. कडल्यान उपलब्ध जातलो. रा.जै.मं.क निधी पुरवण करपाचे नदरेन आनी रा.जै.मं. वरवीं जै.वे.स.क अर्थीक पालव दिवपाचे नदरेन राज्य सरकार आपल्या अदमास पत्रकांत फावो ती तरतूद करतलें.

जैवीक विविधता अधिनियम, 2002 प्रमाण जै.वे.स. घडल्या अशा आशयाचें पत्र पावतकीच, रा.जै.मंडळ जै.वे.स.क बँक खातें उक्तें करूंक मदत करतलें.

रा.जै.मंडळान जै.वे.स.क थेट निधी-पुरवण करूंक जाय आनी नोडल अधिकारी/अ.वि.अ./ जिल्लो प्रशासन/जिल्लो परिषद हांका तेसंबंदी कळीत करूंक जाय. खर्चाच्या विवरणासयत विनियोग प्रमाणपत्र (वि.प्र.) रा.जै.मं.क भेटोवचें पडटलें. रा.जै.प्रा./रा.जै.मं. आदी जे संस्थेकडल्यान तांका निधी मेळ्ळा ते संस्थेक जै.वे.स. विनियोग प्रमाणपत्र (वि.प्र.) भेटयतली.

जै.वे.स.च्या सगळ्या निधीचो विनियोग जै.वे.स.चो अध्यक्ष आनी सचिव संयुक्तपणान करतले.

जै.वे.स.चो सचिव तिचे हिशेब पळयतलो. हिशेब प्रक्रिया विकसीत करची पडटली आनी हिशेबाच्या सांबाळांचीं प्रारुपां रा.जै.मं. उपलब्ध करून दितलें.

हिशेबाचो योग्यतरेन सांबाळ आनी सादरीकरण हांची खात्री करपाचे नदरेन रा.जै.मं. एक कार्यसूची तयार करतलें. त्याच उद्देसान खासा नेमिल्लो लेखा-परिक्षक वर्सुकी जै.वे.स.चे हिशेब तपासतलो. जै.वे.स.न तो लेखा-अहवाल पारीत करतकीच तो स्थानीक स्वराज संस्थेक आनी रा.जै.मं.क भेटयतले.

वर्सुकी अहवाल तयार करप, जै.वे.स.न घडयल्ले कृती-येवजणे प्रमाण संसाधनांचो विनियोग करप, थळावे जैव-विविधतायेच्या संवर्धनाक प्राधान्य दिवप हांचे सयत विनियोग प्रमाणपत्र (वि.प्र.) भेटोवप आनी हिशेब दवरप ह्या प्रक्रियां संबंदांत जै.वे.स.चो सचिव आनी वांगडी हांका प्रशिक्षण दिवचें पडटलें.

प्रादेशीक प्रस्नांचें प्राधान्य आनी महत्त्व मतींत घेवन, अधिनियमाची अंमलबजावणी करपाचे नदरेन, रा.जै.मं. कडल्यान शिफारस येतकीच राज्य सरकार नोडल/जिल्लो पांवड्यार फावो तो निधी आनी कर्मचारी वर्ग दितलें. तसो निधी रा.जै.मं. वरवीं प्राप्त जातलो.

## 2.3 निधीचो ताबो

जै.वे.स.चो निधी बँक खात्यांत सांबाळून दवरतले. स्थानीक स्वराज्य संस्था/जिल्लो प्रशासन अशे तरेच्या स्थायी अस्थापनाचो अधिकारी आशिल्ल्या अधिकाऱ्याकडेन जै.वे.स.च्या निधीचो ताबो आसतलो आनी तो अधिकारी प्राप्ती, फारीकपण/खर्च आनी देवघेव हांच्या वेळार निधीचे सुरक्षिततायेची खात्री करतलो, फावो त्यो नोंदी, हिशेब आनी लेखा-तपासणे खातीर सांबाळून दवरतलो.

जै.वे.स. बिलां फारीक करतना चेकान करतली आनी रोखीन फारीकपण जाता तितलें टाळटलीं.

जै.वे.स.क माल, उपकरणां, फर्नीचर आनी सल्लागार, सांबाळ आनी देखरेख अश्यो पुरवण आनी हेर सेवा तशेंच हेर वेवस्थापन सेवा, तंत्रीक सेवा आनी जाणकार-पालव लागूं येतात.

माल आनी सेवा हांची खरेदी कुशळटायेन आनी अदमासपत्रकांतली अर्थीक परिस्थिती नदरे मुखार दवरून हात राखून करूं येता. स्थानीक स्वराज्य संस्थांनी तशे तरेच्या खरेदी संबंदान घालून दिल्ल्या मानक नियमांक पाळो दिवं येता.

## 2.4 जै.वे.स.च्या खर्चाची कार्यपद्दती

दरेका जै.वे.स.क तिच्या पांवड्यार फावोसो सुरवेचो निधी उपलब्ध करतले आनी तो निधी सकयल दिल्ले पद्दतीन म्होडटलेः

## 2.5 लोक जैव-विविधताय रजिस्टरा खातीर खर्चाची पद्दत

लोक जैव-विविधताय रजिस्टरां(लो.जै.र.) खातीर राखून दवरिल्लो निधी सकयल्ले तरेन वापरूं येताः

| क्र. | तपशील | गांव पांवड्या वयली जै.वे.स. आनी लो.जै.र. (रू.) | गट/तालुको पांवड्या वयली जै.वे.स. आनी लो.जै.र. (रू.) | जिल्लो पांवड्या वयली जै.वे.स. आनी लो.जै.र. (रू.) |
|---|---|---|---|---|
| 1 | लो.जै.र. तयार करपाच्या वे-ळार हातांत घेवपाच्या साबार उपक्रमां खातीरचो खर्च भागोवंक रा.जै.मं.क आरक्षीत निधी | 15,000 | 20,000 | 30,000 |
| | **पांवडो 1** | | | |
| 1 | जागृताय/पी.आर.ए. उपक्रम | 5,000 | 10,000 | 15,000 |
| 2 | कौशल्य विकास/क्षेत्रीय भेटी/बसको | 10,000 | 10,000 | 20,000 |
| 3 | मुळावी माहिती संकलन | 20,000 | 20,000 | 35,000 |
| | **पांवडो 2** | | | |
| 4 | माहिती प्रक्रिया/ दस्तावेजीकरण/मसुदो तयार करप | 20,000 | 30,000 | 40,000 |
| 5 | लो.जै.र. छापणावळ खर्च | 10,000 | 20,000 | 30,000 |
| 6 | तंत्रीक पालव गट/कर्मचारी हांकां मानधन/प्र.भ./म्हा.भ. | 25,000 | 25,000 | 40,000 |
| 7 | किरकोळ खर्च | 10,000 | 15,000 | 20,000 |
| ` | **एकूण** | **1,15,000** | **1,15,000** | **2,30,000** |

## 2.6 चेकांचेर निशाणी करप आनी स्थायी आस्थापनाच्या वांगड्यांक पालव

जै.वे.स.चो अध्यक्ष आनी सचिव मेळून चेकांचेर निशाणी करतले. सचिव रान/पंचायत राज/खातें आदी खंयच्या तरी स्थायी आस्थापनांतलो आसचो पडटलो. जै.वे.स.चो सचिव, जै.वे.स.चो हिशोब सांबाळटलो. स्थायी आस्थापनाच्या ह्या वांगड्या खातीर हो अतिरिक्त कार्यभार मानतले. देखून दरेका सचिवाक हे सेवे खातीर फावो तें मानधन (रुपया) फारीक करतले. ह्या संदर्भांत, राज्य सरकारान रा.जै.मं. कडेन मसलत करून तशे तरेचो आदेश/थाराव जारी करूं येता.

## 2.7 रोख नोंदपटी

जै.वे.स.न एक रोख नोंदपटी सांबाळूंक जाय. हे नोंदपटयेंत रोख/बँकेच्या वेव्हाराच्यो सगळ्यो नोंदी नोंद करूंक जाय. रोखपटीचें संकलन करतना, सगळ्या पावत्यांच्या/प्रमाणपत्रांच्या रोख फारीकपणाच्या नोंदींचे पान क्रमांक दाखोवंक जाय. रोख नोंदपटेंत रोख फारीकपणाची लेगीत नोंद करूंक जाय.

## 2.8 खर्चाचेर नियंत्रण

जै.वे.स.चो अध्यक्ष अर्थीक आदेश लागू करपा खातीर तशेंच दरेका पांवड्यार खर काटकसर करपा खातीर जापसाल आसतलो.

जै.वे.स. चो सचिव विहित नमुन्यांत हिशेब सांबाळप आनी हिशेबाचें अद्यतन हांचे खातीर जापसाल आसतलो.

## 2.9 बँक ताळमेळ विवरण

दरेका म्हयन्याच्या निमण्या दिसाक बँकेंतली शिल्लक आनी रोख नोंदपटी हांचो ताळमेळ घालूंक जाय आनी कॅशियरान(रोखपाल) ताळमेळ विवरण तयार करपाची गरज आसचीना.

## 2.10 खर्चाचें विवरण

निर्धारीत काळा भितर निधी पुरवण करपी यंत्रणेक येणावळ/आवक आनी खर्च हांचें विवरण सादर करचें पडटलें. प्राप्त जाल्ल्या निधींतलो उण्यांत उणो 80% खर्च जाल्या उपरांत, विहीत नमुन्यांत 'विनियोग प्रमाणपत्र' सादर करचें पडटलें. (मार्गदर्शक सुचोवण्या वांगडा नमुनो जोडला.)

## 2.11 जै.वे.स. आनी जैवीक संसाधनांनी रिगाव, शुल्कभार, लाबवांटणी

जैवीक संसाधनां आनी परंपरीक गिन्यानांत मंजूर केल्ल्या रिगावाचे तपशील, लागू केल्ल्या संकलन शुल्काचे तपशील, तशेंच प्राप्त जाल्ले लाब आनी तांचे वांटणेची पद्दत हांचे तपशील दिवपी एक रजिस्टर जै.वे.स.न सांबाळूंक जाय आनी स्थानिक संस्थेन मदींमदीं तो तपासूंक जाय.

संकलन शुल्क, लाब वांटणी आनी वारसो थळांचें व्यवस्थापन, पवित्र जलायश, देवरायो आदीं संबंदांतले प्रस्न रा.जै.मं.च्या तंत्रीक पालव गटा कडेन मसलत करून सोडयतले आनी ह्या संदर्भांत जै.वे.स.क राज्य/प्रादेशीक/जिल्लो पांवड्यार गरजेचो पालव दिवपाचे नदरेन रा.जै. मंडळ, थळाव्या जाणकारांचो आसपाव आशिल्ल्या तंत्रीक पालव गटांची स्थापना करतलें.

# अनुभाग III- तंत्रीक बाबीं

### 3.1 सवे अनुसुचीत आसपाविल्लीं क्षेत्रां

सवे अनुसुचींत आसपाविल्ल्या क्षेत्रांच्या बाबतींत, स्वायत्त जिल्लो मंडळांनी अधिमान्यताय दिल्ल्या थळाव्या संस्थांच्या पांवड्याचेर जै.वे.स.ची स्थापना करची पडटली. एकामेकांचें (आरतेंपरतें) समान वांगडीपण आनी नेमान जाल्ल्यो समन्वय बसका हांचे वरवीं स्थानीक संस्थांनी जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांच्या थळाव्या संस्थांकडल्या एकीकरणाची खात्री करपाक जाय.

उत्तर-पूर्व राज्यांतल्या संबंदीत राज्य जैव-विविधताय मंडळांनी जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांचे स्थापने खातीर, थंयची वंशीक आनी आनी संस्कृतीक विंगडताय मतींत घेवन वांगड्यांची एक सुचक वळेरी उपलब्द करून दिवंक जाय.

### 3.2 जै.वे.स.क घटाय हाडपाचे नदरेन तंत्रीक पालव गट (तं.पा.ग.)

जै.वे.स.च्या कार्यान्वयनांत मार्गदर्शन करपी अधिकारी/संस्था/विद्वान आनी थळाव्या पांवड्या वयले जैव-विविधतायेचे जाणकार हांचो आसपाव आशिल्ले तंत्रीक पालव गट (तं.पा.ग.) रा.जै.मं.नी जिल्लो पांवड्याचेर घडोवंक जाय.

लोक जैव-विविधताय रजिस्टरांचो सांबाळ, अधिसत्यताय आनी अभिप्रमाणन, थळावे तंत्रीक पालव समितीच्या पालव/मार्गदर्शना खाला जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांनी करूंक जाय आनी ताची एक प्रत रा.जै.मं.क उपलब्ध करून दिवंक जाय.

योग्य पांवड्याचेर (राज्य/प्रदेश/जिल्लो) स्थापन जाल्ल्या तं.पा.ग. न संकलन शुल्क, लाब वांटणी, वारसो थळांचें वेवस्थापन, देवरायो आनी जलाशय हांच्या संबंदांत जै.वे.स.क पालव दिवंक जाय. थळावे स्थिती प्रमाण रान, कृशी, बागकाम, पशुचिकित्सा आनी नुस्तेमारी, थळाव्यो शिक्षणीक आनी संशोधन संस्था, स्वायत्त जिल्लो मंडळां, बिगर सरकारी संस्था, वनस्पती वेवसायीक हांचो आसपाव करून जिल्लो पांवड्यार तंत्रीक पालव गटाची स्थापना करूंक जाय. लो.जै.र.त आसपावन घेवपाचे नदरेन, वनस्पती आनी पशुंचीं नांवां, वनस्पती आनी पशुं कडेन संबंदीत परंपरीक गिन्यान तशेंच आपल्या अधिकार क्षेत्रांतर्गत संवर्धना संबंदांतल्यो समाजाच्यो चालंत पद्दती हांची वळेरी करपांत तंत्रीक पालव गटान जै.वे.स.क पालव दिवंक जाय.

### 3.3 देखरेख

राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरणान (रा.जै.प्रा.) दर दोन वर्सां उपरांत क्षेत्रीय-अधिकारी, शास्त्रज्ञ, विद्वान व्यक्ती, सदस्य-सचिव तशेंच हेर व्यक्ती-अशा जाणकारांची एक समिती, वेळावेळार मार्गदर्शन सुचोवण्यांनी बदल करपाचे नदरेन, जै.वे.स.ते कार्यपद्दतीचो नियाळ करपा खातीर नेमूंक जाय.

### 3.4 लो.जै.र. आनी तातूंतले माहितीचो ताबो

जै.वे.स.न लो.जै.र.त नोंदयल्ले माहितीचे गोपनियतेची, खासा करून गांवां भायल्या यंत्रणांक आनी व्यक्तींक रिगाव दिवपी नियमनाच्या प्रस्नां संबंदान, खात्री करूंक जाय. रजिस्टरांतलो रिगाव लिखीत स्वरुपांत नोंद करूंक जाय आनी रा.जै.मं/तं.पा.ग. हांचे कडेन मसलत करून तो सांबाळून दवरूंक जाय. लो.जै.र. तली कसलीय माहिती/गिन्यान हांच्या केल्ल्या वापराची फावो ती आनी योग्य तरेन नोंद दवरूंक जाय.

### 3.5 जै.वे.स. आनी जैव-विविधताय वारसो थळां

जै.वे.स.क जैव-विविधतायेचे नदरेन महत्त्वाचे चड आनी चड वाठार अधिरक्षीत करपा खातीर प्रवृत्त करपाचे नदरेन, जैव-विविधताय वारसो थळां (जै.वा.थ.)ची घोशणा करपी जै.वे.स.च्या नांवान राष्ट्रीयकृत बँकेंत रू. 50,000/- (रुपया पन्नास हजार फकत) ची रक्कम जमा करतले. हे रकमे वयल्या कळंतराचो उपेग जै.वे.स.न तिच्या यत्नांक घटाय हाडपी उपक्रम राबोवपा खातीर करूं येता.

### 3.6 वाद मिटोवप

एकाच जिल्ल्यांतल्या जै.वे.स. भितरले/मदले वाद नोडल अधिकारी/मु.का.अ. जिल्लो परिषद/जिल्लो दंडाधिकारी हांचे मुखार दवरूं येतात.

**परिशिश्ट 1**

ग्राम पंचायत पांवड्यार जै.वे.स.च्या थारावाचो नमुनो

# ग्राम पंचायतींनी जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक

थाराव क्र.: ------------------- तारीखः--------------------

ग्राम पंचायतीचें नांवः- ------------------- तालुकोः----------- जिल्लोः--------

---

ग्राम पंचायतीची बसका-------- तारखेर-------- वरांचेर ग्राम पंचायत कार्यालयांत, श्री/श्रीमती ------- अध्यक्ष, हांचे येजमानके खाला जाली आनी सगळ्या वांगड्यांचे संमतीन तीन/पांच वर्सांच्या काळा खातीर जैवीक विविधताय अधिनियम, 2002 च्या अनुभाग 41(1) आनी जैवीक विविधताय नियम, 2004 च्या नियम 22 तशेंच राज्य जैविक विविधताय नियम, 2005 च्या नियम ----- ✻ प्रमाण जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती घडयली.

**समितीच्या वांगड्यांचे तपशील**

| अनु. क्र. | पुराय नांव आनी नामो | पिराय | गट | निशाणी |
|---|---|---|---|---|
| 1 | | | अध्यक्ष | |
| 2 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 3 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 4 | | | अ.जा./अ.ज. वांगडी | |
| 5 | | | वांगडी | |
| 6 | | | वांगडी | |
| 7 | | | सचिव | |

✻ राज्य नियमाचो संबंदीत नियम क्रमांक घालचो.

**जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती सकयल्ल्या गजालीं खातीर जापसाल आसतलीः**

1. तिच्या अधिकार-क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांचें संवर्धन आनी सम्यक वापर.
2. तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांनी जावपी बेकायदेशीर रिगाव आडावप.
3. गरज तेन्ना विंगड विंगड विशयांत राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण, चेन्नय आनी ------ जैव-विविधताय मंडळ हांचे कडेन मत-प्रदर्शन करप.
4. अधिनियमा प्रमाण तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव-संसाधनांच्या वेपारी उद्देशा खातीर केल्ल्या रिगावा/संकलना खातीर संकलन-शुल्का वरवी मोल लावप.
5. जैवीक संसाधनांचो वापर करपी थळावे वैज आनी वेवसायीक हांची माहिती दवरप.
6. जैवीक संसाधनांनी केल्लो रिगाव आनी मंजूर केल्लें परंपरीक गिन्यान, लायिल्लें संकलन शुल्क आनी प्राप्त जाल्ले लाब तशेंच वांटणेची पद्धत हांचे तपशील आशिल्लो रजिस्टर दवरप.
7. जैव-विविधताय आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान हांचें दस्तावेजीकरण करपाचो वावर लेगीत जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती करतली.
8. राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण आनी जैव-विविधताय मंडळ हांणी वेळा वेळार दिल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण जैव-विविधताय निधीचें वेवस्थापन आनी वापर.

**निशाणी**
**अध्यक्ष**
**ग्राम पंचायत**

**निशाणी**
**ग्राम पंचायत सचिव/स्थायी आस्थापनाचो वांगडी**

**परिशिश्ट 2**

गट पांवड्याचेर जै.वे.स. च्या थारावाचो नमुनो

## गट/तालुको/मंडळ पंचायत पांवड्यार जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक

थाराव क्र.ः ------------------- तारीखः--------------------

गटाचें नांवः- ---------------- जिल्लोः--------

गट पंचायतीची बसका-------- तारखेर-------- वरांचेर गट पंचायत कार्यालयांत, श्री/श्रीमती ------- अध्यक्ष, हांचे येजमानके खाला जाली आनी सगळ्या वांगड्यांचे संमतीन तीन/पांच वर्सांच्या काळा खातीर जैवीक विविधताय अधिनियम, 2002 च्या अनुभाग 41(1) आनी जैवीक विविधताय नियम, 2004 च्या नियम 22 तशेंच जैवीक विविधताय नियम, 2005 च्या नियम ----- ✻ प्रमाण जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती घडयली.

**समितीच्या वांगड्यांचे तपशील**

| अनु.क्र. | पुराय नांव आनी नामो | पिराय | गट | निशाणी |
|---|---|---|---|---|
| 1 | | | अध्यक्ष | |
| 2 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 3 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 4 | | | अ.जा./अ.ज. वांगडी | |
| 5 | | | वांगडी | |
| 6 | | | वांगडी | |
| 7 | | | सचिव | |

✻ राज्य नियमाचो संबंदीत नियम क्रमांक घालचो.

**जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती सकयल्ल्या गजालीं खातीर जापसाल आसतलीः**

1. तिच्या अधिकार-क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांचें संवर्धन आनी सम्यक वापर.
2. तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांनी जावपी बेकायदेशीर रिगाव आडावप.
3. गरज तेन्ना विंगड विंगड विशयांत राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण, चेन्नय आनी ------ जैव-विविधताय मंडळ हांचे कडेन मत-प्रदर्शन करप.
4. अधिनियमा प्रमाण तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव-संसाधनांच्या वेपारी उद्देशा खातीर केल्ल्या रिगावा/संकलना खातीर संकलन-शुल्का वरवी मोल लावप.
5. जैवीक संसाधनांचो वापर करपी थळावे वैज आनी वेवसायीक हांची माहिती दवरप.
6. जैवीक संसाधनांनी केल्लो रिगाव आनी मंजूर केल्लें परंपरीक गिन्यान, लायिल्लें संकलन शुल्क आनी प्राप्त जाल्ले लाब तशेंच वांटणेची पद्धत हांचे तपशील आशिल्लो रजिस्टर दवरप.
7. जैव-विविधताय आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान हांचें दस्तावेजीकरण करपाचो वावर लेगीत जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती करतली.
8. राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण आनी जैव-विविधताय मंडळ हांणी वेळा वेळार दिल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण जैव-विविधताय निधीचें वेवस्थापन आनी वापर.

| | |
|---|---|
| **निशाणी** | **निशाणी** |
| **अध्यक्ष** | **अध्यक्ष, कार्यकारी अधिकारी** |
| **तालुको/ गट/मंडळ पंचायत** | **तालुको/ गट/मंडळ पंचायत** |

**परिशिश्ट 3**

जिल्लो पंचायत पांवड्यार जै.वे.स. च्या थारावाचो नमुनो

# जिल्लो पंचायतींत जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक

थाराव क्र.: -------------------    तारीखः--------------------

जिल्ल्याचें नांवः- ------------------

जिल्लो पंचायतीची बसका-------- तारखेर-------- वरांचेर जिल्लो पंचायत कार्यालयांत, श्री/श्रीमती ------- अध्यक्ष, हांचे येजमानके खाला जाली आनी सगळ्या वांगड्यांचे संमतीन तीन/पांच वर्सांच्या काळा खातीर जैवीक विविधताय अधिनियम, 2002 च्या अनुभाग 41(1) आनी जैवीक विविधताय नियम, 2004 च्या नियम 22 तशेंच जैवीक विविधताय नियम, 2005 च्या नियम ----- ✻ प्रमाण जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती घडयली.

**समितीच्या वांगड्यांचे तपशील**

| अनु.क्र. | पुराय नांव आनी नामो | पिराय | गट | निशाणी |
|---|---|---|---|---|
| 1 | | | अध्यक्ष | |
| 2 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 3 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 4 | | | अ.जा/अ.ज. वांगडी | |
| 5 | | | वांगडी | |
| 6 | | | वांगडी | |
| 7 | | | सचिव | |

✻ राज्य नियमाचो संबंदीत नियम क्रमांक घालचो.

**जैव- विविधताय वेवस्थापन समिती सकयल दिल्ल्या गजालीं खातीर जापसाल आसतलीः**

1. तिच्या अधिकार-क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांचें संवर्धन आनी सम्यक वापर.
2. तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांनी जावपी बेकायदेशीर रिगाव आडावप.
3. गरज तेन्ना विंगड विंगड विशयांत राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण, चेन्नय आनी ------ जैव-विविधताय मंडळ हांचे कडेन मत-प्रदर्शन करप.
4. अधिनियमा प्रमाण तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव-संसाधनांच्या वेपारी उद्देशा खातीर केल्ल्या रिगावा/संकलना खातीर संकलन-शुल्का वरवी मोल लावप.
5. जैवीक संसाधनांचो वापर करपी थळावे वैज आनी वेवसायीक हांची माहिती दवरप.
6. जैवीक संसाधनांनी केल्लो रिगाव आनी मंजूर केल्लें परंपरीक गिन्यान, लायिल्लें संकलन शुल्क आनी प्राप्त जाल्ले लाब तशेंच वांटणेची पद्धत हांचे तपशील आशिल्लो रजिस्टर दवरप.
7. जैव-विविधताय आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान हांचें दस्तावेजीकरण करपाचो वावर लेगीत जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती करतली.
8. राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण आनी जैव-विविधताय मंडळ हांणी वेळा वेळार दिल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण जैव-विविधताय निधीचें वेवस्थापन आनी वापर.

| | |
|---|---|
| **निशाणी** | **निशाणी** |
| **अध्यक्ष** | **मुखेल कार्यकारी अधिकारी** |
| **जिल्लो पंचायत** | **जिल्लो पंचायत** |

**परिशिश्ट 4**

# नगर पालिका पांवड्यार जै.वे.स. च्या थारावाचो नमुनो

**नगर पालिका पांवड्यार जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक**

थाराव क्र.: ------------------- तारीखः-------------------

नगर पालिकेचें नांवः- -------------------

नगर पालिकेची बसका-------- तारखेर-------- वरांचेर नगर पालिका कार्यालयांत, श्री/ श्रीमती ------- अध्यक्ष, हांचे येजमानके खाला जाली आनी सगळ्या वांगड्यांचे संमतीन तीन/ पांच वर्सांच्या काळा खातीर जैवीक विविधताय अधिनियम, 2002 च्या अनुभाग 41(1) आनी जैवीक विविधताय नियम, 2004 च्या नियम 22 तशेंच जैवीक विविधताय नियम, 2005 च्या नियम -- ✻ प्रमाण जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती घडयली.

**समितीच्या वांगड्यांचे तपशील**

| अनु.क्र. | पुराय नांव आनी नामो | पिराय | गट | निशाणी |
|---|---|---|---|---|
| 1 | | | अध्यक्ष | |
| 2 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 3 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 4 | | | अ.जा/अ.ज. वांगडी | |
| 5 | | | वांगडी | |
| 6 | | | वांगडी | |
| 7 | | | सचिव | |

✻ राज्य नियमाचो संबंदीत नियम क्रमांक घालचो.

**जैव- विविधताय वेवस्थापन समिती सकयल्ल्या गजालीं खातीर जापसाल आसतलीः**

1. तिच्या अधिकार-क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांचें संवर्धन आनी सम्यक वापर.
2. तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांनी जावपी बेकायदेशीर रिगाव आडावप.
3. गरज तेन्ना विंगड विंगड विशयांत राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण, चेन्नय आनी ------ जैव-विविधताय मंडळ हांचे कडेन मत-प्रदर्शन करप.
4. अधिनियमा प्रमाण तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव-संसाधनांच्या वेपारी उद्देशा खातीर केल्ल्या रिगावा/संकलना खातीर संकलन-शुल्का वरवी मोल लावप.
5. जैवीक संसाधनांचो वापर करपी थळावे वैज आनी वेवसायीक हांची माहिती दवरप.
6. जैवीक संसाधनांनी केल्लो रिगाव आनी मंजूर केल्लें परंपरीक गिन्यान, लायिल्लें संकलन शुल्क आनी प्राप्त जाल्ले लाब तशेंच वांटणेची पद्धत हांचे तपशील आशिल्लो रजिस्टर दवरप.
7. जैव-विविधताय आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान हांचें दस्तावेजीकरण करपाचो वावर लेगीत जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती करतली.
8. राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण आनी जैव-विविधताय मंडळ हांणी वेळा वेळार दिल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण जैव-विविधताय निधीचें वेवस्थापन आनी वापर.

**निशाणी**
**नगराध्यक्ष**

**निशाणी**
**आयुक्त**
**नगर पालिका**

**परिशिश्ट 5**

महानगर पालिका पांवड्यावेल्या जै.वे.स. च्या थारावाचो नमुनो

## महानगर पालिका पांवड्यार जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांची रचणूक

थाराव क्र.: -------------------    तारीखः--------------------

महानगर पालिकेचें नांवः- -------------------

महानगर पालिकेची बसका-------- तारखेर-------- वरांचेर महानगर पालिकेच्या कार्यालयांत, श्री/श्रीमती ------- अध्यक्ष, हांचे येजमानके खाला जाली आनी सगळ्या वांगड्यांचे संमतीन तीन/पांच वर्सांच्या काळा खातीर जैवीक विविधताय अधिनियम, 2002 च्या अनुभाग 41(1) आनी जैवीक विविधताय नियम, 2004 च्या नियम 22 तशेंच जैवीक विविधताय नियम, 2005 च्या नियम ------ प्रमाण जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती घडयली.

**समितीच्या वांगड्यांचे तपशील**

| अनु.क्र. | पुराय नांव आनी नामो | पिराय | गट | निशाणी |
|---|---|---|---|---|
| 1 | | | अध्यक्ष | |
| 2 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 3 | | | स्त्री-वांगडी | |
| 4 | | | अ.जा/अ.ज. वांगडी | |
| 5 | | | वांगडी | |
| 6 | | | वांगडी | |
| 7 | | | सचिव | |

* राज्य नियमाचो संबंदीत नियम क्रमांक घालचो.

**जैव- विविधताय वेवस्थापन समिती सकयल दिल्ल्या गजालीं खातीर जापसाल आसतलीः**

1. तिच्या अधिकार-क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांचें संवर्धन आनी सम्यक वापर.
2. तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव संसाधनांनी जावपी बेकायदेशीर रिगाव आडावप.
3. गरज तेन्ना विंगड विंगड विशयांत राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण, चेन्नय आनी ------ जैव-विविधताय मंडळ हांचे कडेन मत-प्रदर्शन करप.
4. अधिनियमा प्रमाण तिच्या अधिकार क्षेत्रांतल्या जैव-संसाधनांच्या वेपारी उद्देशा खातीर केल्ल्या रिगावा/संकलना खातीर संकलन-शुल्का वरवी मोल लावप.
5. जैवीक संसाधनांचो वापर करपी थळावे वैज आनी वेवसायीक हांची माहिती दवरप.
6. जैवीक संसाधनांनी केल्लो रिगाव आनी मंजूर केल्लें परंपरीक गिन्यान, लायिल्लें संकलन शुल्क आनी प्राप्त जाल्ले लाब तशेंच वांटणेची पद्धत हांचे तपशील आशिल्लो रजिस्टर दवरप.
7. जैव-विविधताय आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान हांचें दस्तावेजीकरण करपाचो वावर लेगीत जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती करतली.
8. राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण आनी जैव-विविधताय मंडळ हांणी वेळा वेळार दिल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण जैव-विविधताय निधीचें वेवस्थापन आनी वापर.

**निशाणी**
**अध्यक्ष**
**महानगर पालिका**

**निशाणी**
**आयुक्त**
**महानगर पालिका**

# जै. वे. स. च्या बसकांचें इतिवृत्त नोंद करपा खातीरचो नमुनो

------------------------------- जैव-विविधताय वेवस्थापन समितीचें इतिवृत्त

बसकेची तारीख -------------

बसकेचें थळ -------------

**बसकेची विशय वळेरीः**

i)
ii)
iii)
iv)
v)

**महत्वाच्या विशयां सयत जाल्ले भासाभाशेचो आनी घेतिल्ल्या निर्णयांचो वृत्तांतः**

i)
ii)
iii)
iv)

**हाजीर आशिल्ले वांगडी, तांचें पद आनी निशाणीः**

a)
b)
c)
d)
e)
f)

निशाणी
अध्यक्ष
जै.वे.स.

निशाणी
सचिव
जै.वे.स.

**परिशिश्ट 7**

# जैव-विविधताय वेवस्थापन समितीच्या
# वर्सुकी अहवाला खातीरचो नमुनो

क. समितीचें नांव

गांवांचें नांवः-

गट/तालुको/मंडळाचें नांवः-

जिल्ल्याचें नांवः-

राज्याचें नांवः-

ख. अहवालाचो काळ (अर्थीक वर्स)

ग. त्या काळा खातीरचे पदाधिकारी (अध्यक्ष आनी सचिवाचें नांव)

घ. संबंदीत वर्सा खातीरचे कृती-येवजण कार्यावळींचो तपशीला सयत अहवाल.

ङ. संबंदीत वर्सा मजगतीं केल्ल्या कार्यावळींचो तपशिला सयत अहवाल.

च. समितीचे अर्थीक स्थितीचो थोडे भितर हिशेब

छ. अधिकार क्षेत्राचो नकासो.

ज. लोक जैव-विविधताय रजिस्टरा(लो.जै.र.) संबंदांतल्या वावराचो नियाळ

दस्तावेजीकरण

अद्ययावतीकरण

रा.जै.मं. कडेन सल्लोमसलत करून सत्यांकन

तंत्रीक पालव गटाचे (तं.पा.ग.) तपशील

झ. जै.वे.स.न घेतिल्ल्या थारावांची आनी निर्णयांची नोंद केल्ली इतिवृत्त पटी.

ञ. जै.वे.स.च्या थारावां सयत जै.वे.स. चो वर्सुकी वित्त-अहवाल

ट. भेट दिल्ल्या व्यक्तींची वळेरी.

ठ. जै.वे.स.न जैवीक संसाधनांनी आनी परंपरीक गिन्यानांत रिगाव दिल्ल्या व्यक्तींची वळेरी.

ढ. फोटे, खबरांची कात्रणां (आसल्यार).

| | |
|---|---|
| निशाणी | निशाणी |
| अध्यक्ष | सचिव |
| जै.वे.स. | जै.वे.स. |

**परिशिश्ट 8**

# जैवीक संसाधनांचो वापर करपी वैज आनी वेवसायिकां खातीर नमुनो

**ग्राम पंचायतीच्या अधिकार क्षेत्रांत रावपी आनी/वा थंय मेळपी जैवीक संसाधनां वापरपी वैज, हकीम आनी परंपरीक भलायकी उपचारांचे (मानवी आनी पाळीव मोनजातींचे) वेवसायीक हांची वळेरी.**

नांवः-
पिरायः-
लिंगः-
नामोः-
प्राविण्याचें क्षेत्रः-
ती व्यक्ती जैवीक संसाधन सामुग्री मेळयता तें थळः-
संसाधनाचे स्थिती विशीं वेवसायिकाचो दिश्टीकोनः-

नांवः-
पिरायः-
लिंगः-
नामोः-
प्राविण्याचें क्षेत्रः-
ती व्यक्ती जैवीक संसाधन सामुग्री मेळयता तें थळः-
संसाधनाचे स्थिती विशीं वेवसायिकाचो दिश्टीकोनः-

नांवः-
पिरायः-
लिंगः-
नामोः-
प्राविण्याचें क्षेत्रः-
ती व्यक्ती जैवीक संसाधन सामुग्री मेळयता तें थळः-
संसाधनाचे स्थिती विशीं वेवसायिकाचो दिश्टीकोनः-

परिशिश्ट- 9

# जैवीक संसाधनांनी रिगावा संबंदीची आनी मंजूर केल्ल्या परंपरीक गिन्याना संबंदीची नोंद दवरपा खातीर नमुनो

**जैवीक संसाधनांनी रिगाव आनी मंजूर केल्ल्या परंपरीक गिन्यानाचे तपशील, लागू केल्ल्या संकलन शुल्काचे तपशील आनी मेळिल्ले लाब तशेंच तांचे वांटणेची पद्दत, हांचे तपशील.**

| अनु. क्र. | व्यक्ती / संस्था / कंपनी / हेर हांचें नांव आनी नामो | रिगाव केल्ले जैवीक सामुग्रेचें थळावें आनी शास्त्रीय नांव आनी प्रमाण | जै.वे.स. च्या थारावाची तारीख आनी पंचायतीचो मान्यताय शेरो | लागू केल्ल्या संकलन शुल्काचे तपशील | लाब वांटणेची अनुमानीत पदद्त वा वांटणी जाल्ल्या लाबांचें प्रमाण |
|---|---|---|---|---|---|
| | | | | | |
| | | | | | |
| | | | | | |
| | | | | | |
| | | | | | |
| | | | | | |
| | | | | | |

**परिशिश्ट- 10**

# खर्च रजिस्टर प्रमाणपत्र

जै.वे.स. चें नांवः- ---------------------------------------------

बील अनु.क्र.ः- -------------        प्रमाणपत्र अनु.क्र.ः- -------------------

तारीखः-------------        तारीखः------------

वयल्या बिलांत उल्लेखीत रक्कम सकयल्ल्या खात्यांत जमा/वजा केल्याः.

| अनु. क्र. | खात्याचें नांव | वजा केल्ली रक्कम | जमा केल्ली रक्कम |
|---|---|---|---|
| | | | |
| | **एकूण** | | |

रू.ः---------- (उतरांनी) ---------------------------- प्रमाणपत्राची नोंद रजिस्टर क्र. --- च्या --- पानाचेर केल्या.

**अधिकाऱ्याची निशाणी**

**परिशिश्ट- 11**

# पावती

जै.वे.स. चें नांवः- ---------------------- पटी क्र.ः- --------------

---------------------------- तारीखः- --------

पावती क्र.ः ---------------------------------------

श्री/श्रीमती/कार्यालयः- ------------------------------

नामोः- ------------------------------------------

------------------------------------ बँकेचेर काडिल्लो

---------------------------------------- क्रमांकाचो

----------------------------------------- तारखेचो

रोख रक्कम/चेक/ड्राफ्ट मेळ्ळो/मेळ्ळी.

प्राप्त रक्कम------------------- लेखा खात्या खाला घातल्या.

रु. (संख्या) ------------------- लेखा खात्यांत प्राप्त जाले.

(उतरांनी) --------------------------- रुपया प्राप्त जाले.

चेकान फारीक केल्ले रकमेची पावती चेक वठपाचे अधीनतायेन वैध आसतली.

निशाणी

सचिव, जै.वे.स./ आहरण आनी वितरण अधिकारी

परिशिश्ट- 12

# चेक/ड्राफ्ट रजिस्टर

जै.वे.स. चें नांवः-----------------------------------------------------

| अनु.क्र. | ड्राफ्ट/चेक घेवप्याचें नांव | ड्राफ्ट/चेक क्रमांक आनी तारीख | बँकेचें नांव | गट | रक्कम (रू.) | शेरो |
|---|---|---|---|---|---|---|
| (1) | (2) | (3) | (4) | (5) | (6) | (7) |
| | | | | | | |

**परिशिश्ट- 13**

# बिल रजिस्टर

जै.वे.स. चें नांवः-----------------------------------------------------------

| तारीख | बिल क्रमांक | बिलाचो प्रकार | बिलाची रक्कम | सचिव, जै.वे.स./ अधिकारी हाची निशाणी | फारीक करपाचो प्रकार | चेक क्रमांक वा प्रमाणपत्र क्रमांक | चेक क्रमांक वा तारीख | रक्कम (रू) | सचिव, जै.वे.स./ अधिकारी हाची निशाणी | शेरो |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| (1) | (2) | (3) | (4) | (5) | (6) | (7) | (8) | (9) | (10) | (11) |
| | | | | | | | | | | |

टीपः

1. कॉलम नं.6 भितर रोख काय बँक तें बरोवचें.
2. बिल अनु.क्रमांक बिलाचेर लेगीत बरोवचो. बिल अनु.क्र. संबंदीत अर्थीक वर्साच्या निमण्या अंकां प्रमाण आसतलो.

**परिशिश्ट- 14**

# रोख फारीकपणाचें प्रमाणपत्र

जै.वे.स.चें नांवः------------------------------------------------------------

प्रमाणपत्र अनु.क्र. ---------------------------------------------------------------------------

विभाग/फांट्याचें नांवः- -----------------------------------------------

तारीखः- ----------------- बील अनु. क्र.

माहिती सामुग्रीः-----------------------------------------------------------

तारीखः- --------------------

रू.-------------------- (उतरांनी) ------------------------------------------------

रोख फारीक करचे. फारीक केल्ली रक्कम --------------------------------------------------------

लेखा खात्या खाला नोंद करची.

फारीक रकमेचे तपशील रोख पटयेच्या पान क्र.------------ चेर ------------ तारखेक नोंद केल्यात. संबंदिताची रक्कम फारीक केल्या आनी ताची पावती नोंदीं भितर राखून दवरल्या.

निशाणी

सचिव, जै.वे.स./आहरण आनी वितरण अधिकारी

**परिशिश्ट- 15**

# चेकान रक्कम फारीक करपाचें प्रमाणपत्र

कार्यालयाचें नांवः------------------------------------------------------------------

प्रमाणपत्र अनु. क्र.:--------------------------------------------------------------

विभाग/फांट्याचें नांवः-------------------------------------------------------------

तारीख------------------------------बिल अनु.क्र.-----------------------------------------

रू-----------------------------(उतरांनी)---------------------------------------------

सकयल्ल्या चेका वरवीं फारीक करचे.

| अनु. क्र. | नांव | चेक क्रमांक | तारीख | रक्कम |
|---|---|---|---|---|
| (i) | | | | |
| (ii) | | | | |

फारीक केल्ली वयली रक्कम ------------ लेखा खात्या खाला नोंद करची पडटली.

निशाणी

सचिव, जै.वे.स./ आहरण आनी वितरण अधिकारी

परिशिश्ट- 16

# प्रमाणपत्र रजिस्टर

| अनु. क्र. | बिल अनु. क्र. आनी तारीख | रक्कम | रोख फारीकपण प्रमाणपत्र क्रमांक | चेक फारीकपण प्रमाणपत्र क्रमांक | सचिव, जै.वे.स./ आहरण आनी वितरण अधिकाऱ्याची निशाणी | शेरो |
|---|---|---|---|---|---|---|
| (1) | (2) | (3) | (4) | (5) | (6) | (7) |
| | | | | | | |

परिशिश्ट- 17

# रोख नोंदपटी

जै.वे.स.चें नांवः-------------------------------------------------------------

| जमा | | | | | | फारीक | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| जमेची तारीख | जमा क्रमांक | तपशील (जमा करतल्याचें नांव आदी) | रक्कम | | हिशेबाची तारीख | फारीक केल्ल्याची तारीख | प्रमाणपत्र क्रमांक आनी तारीख | तपशील | रक्कम | | हिशेबाची तारीख |
| | | | रोख | बँक | | | | | रोख | बँक | |
| **(1)** | **(2)** | **(3)** | **(4)** | **(5)** | **(6)** | **(7)** | **(8)** | **(9)** | **(10)** | **(11)** | **(12)** |
| | | | | | | | | | | | |
| | | | | | | | | सोंपतेर शिल्लक | | | |
| | | एकूण | | | | | | एकूण | | | |

**परिशिश्ट- 18**

# बँक संगती विधान

------------------------------------------------------------------------- म्हयन्यां खातीर

कार्यालयाचें नांवः-----------------------------------------------------------------------

| अनु. क्र. | तपशील | रक्कम |
|---|---|---|
| 1. | जमाः जारी केल्ले पूण फारीकपणा खातीर सादर करूंक नाशिल्ले चेक | |
| 2. | जमाः जारी केल्ले पूण संबंदितांक दिल्ले चेक. | |
| 3. | जमाः जारी केल्ले पूण भायर पडिल्ले चेक. | |
| 4. | जमाः मुदतपुर्तीन येवपाची रोख रक्कम (बँकेन जमा केल्ली पूण रोख पटयेंत नोंद जावंक नाशिल्ली.) | |
| 5. | जमाः बँकेन फारीक केल्लें कळंतर वा बँके वरवीं थेट प्राप्त जाल्ली रक्कम. | |
| 6. | वजाः थेट बँके वरवीं फारीक केल्ली पूण रोख पटयेंत नोंद करूंक नाशिल्ली रक्कम. | |
| 7. | वजाः बँकेन लायिल्लो पूण रोख पटयेंत नोंद जावंक नाशिल्लो बँक अधिभार, बँक सेवा अधिभार. | |
| 8. | वजाः प्राप्त जाल्ले हिशेबाक धरूंक नाशिल्ले चेक. | |
| पासबुका प्रमाण बँकेंतली शिल्लक रक्कम | | |

निशाणी

सचिव, जै.वे.स./आहरण आनी वितरण अधिकारी

परिशिश्ट- 19

# जर्नल रजिस्टर

जै.वे.स.चें नांवः------------------------------------------------------------------------------------------

------------------------------------------------------------------------------------------

रजिस्टर पान क्रमांकः---------------------------------------- अर्थीक वर्सः------------

| तारीख | अनु.क्र. | लेखा खातें | लेखा पान अनु. क्र. | वजा केल्ली रक्कम | जमा केल्ली रक्कम | तपशील | प्राधिकाऱ्याची निशाणी |
|---|---|---|---|---|---|---|---|
| (1) | (2) | (3) | (4) | (5) | (6) | (7) | (8) |
| | | | | | | | |